**Rajashri kamat PANAJI regional news 27.09.2025 .7.25 am**

**Rashmi 50**

**राज्यपाल, पूसपति अशोक गजपती राजू हांणी पणजीत "गोमंतभूमि जनक परशुराम" पुतळ्याक भेट दिली.गोंयाक परशुराम भुमी म्हणटात. साक्षात परशुराम कशे आशील्ले ते जाणुन घेवपाक आपणे ही भेट दील्या अशे ह्यावेळार राज्यपालान म्हळा.गोय राज्याक संस्कृतीक,इतीहासाचे गिरेस्त अशे दायज आसा ,तशेंच गोय हे 100% साक्षर आशील्ले राज्य अशेय ह्यावेळार राज्यपालान म्हळा. ह्यावेळार पणजी म्हापिलीकेचे महापौर रोहित मोनसेरात हाजीर आशील्ले.**

**रश्मि 45**

**मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी पणजे आझाद मैदानांचेर टी.बी.कुन्हा हांका तांच्या पुण्यतिथी निमतान आर्गा ओपली. स्वातंत्र्य संघर्शाक आपलें जिवीत ओंपून गोंयच्या मुक्ती खातीर झुजपाची प्रेरणा तांणी गोंयकारांक दीली .गोंयाक मुक्ती दीवपाच्या लढ्यात तांचे महत्वाचे योगदान आसा अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.ह्यावेळर वीज मंत्री सुदीन ढवळीकार तशेंच वरीश्ठ सरकारी अधीकारी हाजीर आशील्ले.**

**Dip 110**

**कामगांर आनी रोजगार आयुक्ताच्या कार्यालयान कर्मचारी भविश्य निर्वाह निधी संघटनेच्या गोंय विभागीय कार्यालयाच्या जोड पालवान सेवा पखवाडा मोहिमेचो एक भाग म्हूण 29 सप्टेंबर क सकाळी 10.30 वरांचेर मल्टिपर्पज हॉल, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा उद्देगीक कामगार आनी उद्देजकां खातीर जागृताय कार्यक्रमाचे आयोजन केला.मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं कामगांर आनी रोजगार मंत्री आतानासियो मोन्सेरात हांच्या उपस्थितीत कार्यक्रमाचे**

उक्तावण जातले.कामगांर सचीव संदीप जॅकिस, कामगांर भविश्य निर्वाह निधी कार्यालयाचे अतिरिक्त आयुक्त आरिफ लोहानी, गोव चेंबर ऑफ कॉमर्स एण्ड इंडस्ट्रीजचे अध्यक्ष प्रतिमा धोंड, कामगांर भविश्य निर्वाह निधी संघटनेचे सीबीटी सदस्य सचीन बी. सबनिस, कामगांर आनी रोजगार आयुक्त राजेश एस. आजगांवकर, विभागीय भविश्य निर्वाह निधी आयुक्त रामकेश मिणा, अतुल कोटकर आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.

पोस्ट 80

टपाल खात्यान इनलँड स्पीड पोस्ट दरांत सुदारणा केल्या आनी विश्वासार्हता, सुरक्षितता आनी गिरायकच्या सोयी खातीर नवी खाशेलपणां लागू केल्यांत. सुदारीत दर फुडल्या म्हयन्याच्या 1 तारखे सावन लागू जातले अशें संचारण मंत्रालयान सांगलां. अंतरा प्रमाण स्पीड पोस्टाचे दर 70 रुपया ते 93 रुपया मेरेन सुदारल्यात. स्पीड पोस्टाच्या वस्तूंचेरूय जीएसटी लागू जातली अशें मंत्रालयान सांगलां. विद्यार्थ्यां खातीर स्पीड पोस्ट सेवांची सुलभताय वाडोवपा खातीर स्पीड पोस्ट दरांचेर 10 टक्के सवलत दिल्या. हाचे भायर नव्या व्हड प्रमाणात वापर करपी गिरायकांकय 5 टक्क्यची खाशेली सवलत दितले.

DIP 90

फोंणेच्या फार्मागुडीत येवपी आदिवासी स्वातंत्र्य झुजारी संग्रहालयाचो भाग म्हणून आदिवासी संशोधन संस्था भारताच्या स्वातंत्र्य संघर्शांत योगदान दिवपी आदिवासी स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांच्यो अस्सल वस्तू, यादस्तीक आनी वैयक्तीक वस्तू एकठांय करता. गोंयच्या आदिवासी स्वातंत्र्य झुजाऱ्यां कडेन संबंदीत अशी खंयचीय वस्तू, कागदपत्रां, फोटो, पत्रां वा वैयक्तीक वस्तू खंयच्याय वळखीच्या मनशा कडेन आसल्यार तांकां मुखार येवन सामायिक करपाची विनंती केल्या . तांचे दायज तिगोवन दवरपाक आनी फुडल्या पिळग्यां खातीर तांच्या बलिदानाची याद करपाक आनी मान दाखोवपाक हें योगदान म्हत्वाचें थारतलें. कलाकृती सामायिक वा दान

**करपाक गोवा राज्य अनुसूचित जमाती वित्त आणि विकास महामंडळ लिमिटेड कार्यालयाक भेट दिवची.**

**धोंड नोंदणी 20**

**शिरगांव लईराई देवी देवस्थानान आता धोंड नोंदणी करप बंधनकारक केला. धोंड नोंदणीखातीर देवस्थान समीतीन खासा अर्ज तयार केल्यात .**

स्पोर्ट्स 30

**आशिया कप क्रिकेटांत दुबयंत जाल्ले सुपर फोर स्टेजचे निमाणे मॅचींत भारतान श्रीलंकेक नाट्यमय आनी तीव्र सुपर ओव्हरांत हारयलो. ह्या जैताक लागून भारतीय पगडान आपलो जैताचो क्रम स मॅचीं मेरेन वाडयला. पथुम निसांकाक सामनावीर म्हूण जाहीर केलो.**

**वेदर 50**

**पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 30.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 23.7 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता .वारे वराक 30 ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 50 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला**